# 26 जानेवारी 2024 मेरेन उरिल्ल्या सीएफएफ खातीर प्लेसमेंट दिवपाचें आस्वासन मुखेलमंत्र्यान दिला

19 डिसेंबर 2023

सुटके झुजाऱ्यांचे प्रस्न सोडोवपा खातीर आनी तांची भलायकी निश्चीत करपा खातीर राज्य सरकार कटिबद्ध आसा अशें सांगून मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हालींच सरकाराचे कंपेन्सेटरी नोकरी येवजणे खाला 71 लाभार्थ्यांक आनी सुटके झुजाऱ्यांच्या भुरग्यां खातीर नोकऱ्यो हे येवजणे अंतर्गत 28 लाभार्थ्यांक नोकरी दिवपाची पत्रां जारी केल्यात आनी उरिल्ल्या सुटके झुजाऱ्यांच्या भुरग्यांक 26 जानेवारी 2024 मेरेन नोकरी दितले अशें आस्वासन दिलें. ताळगांवच्या गोंय विद्यापीठ मैदानाचेर आयोजीत केल्ले 63वे गोंय मुक्ती दीस कार्यावळींत ध्वजारोहणा उपरांत ते मुखेल सोयरे ह्या नात्यान उलयताले.

गोंयाक भांगरा राज्यांत घडोवन हाडपाच्या हेतून "अंत्योदय, सर्वोदय, ग्रामोदय" दृश्टीकोन साकार करपा खातीर सरकाराचे समर्पीत यत्न चालीक लायतात अशें मुखेलमंत्र्यान फुडें उक्तायलें.

सगळ्यांत असुरक्षीत लोकांचें उत्थान करप, दरेका व्यक्ती खातीर सर्वांगी उदरगतीक चालना दिवप, दरेका गांवाचे प्रगतीक चालना दिवप हाचेर आमचो भर आसा अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणलें. ह्या संघटीत येत्नांतल्यान गोंयच्या फुडाराची व्याख्या करपी समृद्धी आनी यशाचें चित्र रंगोवपाचो आमचो हेत आसा.

सक्रीय सहभागाक उर्बा दितना मुखेलमंत्र्यान दरेका गोंयकाराक भारतांतल्या लोकां कडेन जोडपा खातीर आनी विवीध कल्याणकारी येवजण्यां विशीं जागृताय करपाच्या उद्देशान विकसीत भारत संकल्प यात्रेंत वांटो घेवपाचें आवाहन केलें. विकसीत भारता खातीर नारीशक्ती, अन्नदाता, युवाशक्ती आनी मध्यमवर्गीय आनी गरीब अशे चार खांबे प्रधानमंत्र्यांनी स्थापन केल्ल्याचेर मुखेलमंत्र्यान उजवाड घातलो. ह्या चारूय खांब्यांक बळगें दिवप हें विकसीत भारताचे धर्तेर समृद्ध गोंय घडोवपा खातीर म्हत्वाचें आसा हाचेर मुखेलमंत्र्यान भर दिलो.

पारंपारीक शिल्पकार आनी कारागीर हांकां सर्वसमावेशक आदार दिवपाचो हेतू आशिल्ल्या प्रधानमंत्री विश्वकर्मा येवजणे अंतर्गत सुमार 20,000 व्यक्तींच्या नोंदणी विशीं समाधान उक्तायतना ह्या यत्नाक लागून कारागिरांक तांची कुशळटाय वाडोवपाक बळगें मेळटलें, सुलभ प्रशिक्षणाच्यो संदी तांच्या भरभराटीचो मार्ग मेकळो जातल्यो हाचेर मुखेलमंत्र्यान भर दिलो.

भाडेकरू आनी मुंडकार प्रकरणां कडेन संबंदीत हुस्को पयस करपाच्या यत्नांत सरकार प्रकरणांचें निवारण बेगीन करपा खातीर आनी वेळार आनी समाधानकारक निश्कर्श काडपा खातीर जायतीं पावलां आनी उपक्रम चालीक लायता अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणले.

मुखेलमंत्र्यान विद्यार्थ्यांची आनी पुलीस दळाची परेड आनी मार्च-पास्टाची पळोवणी केली.

आयपीएस, पुलीस म्हासंचालक श्री. जसपाल सिंग हांकां मुखेलमंत्र्यान राष्ट्रपती पुलीस पदक पुरस्कार ताच्या सेवे खातीर भेटयलो. पुलीस उपअधिक्षक श्री.संतोष देसाय हांकां तांचे गुणवत्तापूर्ण सेवे खातीर पुलीस पदक, उत्तर विभागाचे एसपी श्री. वळसन आयपीएस हांकां तांच्या गुणवंत सेवे खातीर तशेंच हेर 6 जाणांक मुखेलमंत्र्यान पुलीस भांगरा पदकां भेटयलीं. आयआरबीचे श्री. सुशांत सावंत हांकां प्रमाणपत्र आनी 1 लाख रुपया सयत मुख्यमंत्री शौर्य पुरस्कार फावो जालो.
स्वयंपूर्ण गोंय 2.0 कार्यावळींत योगदान दिल्ले खातीर स्वयंपूर्ण मित्रां हांचोय भोवमान केलो.
तशेंच राज्य कृषी पुरस्कार, समाज सेवक पुरस्कार, उत्कृश्ट कर्मचारी पुरस्कार अशे पुरस्कार दृश्टीहीन, शारिरीक अपंगत्व आनी आयकुपाचें दुबळेपण आशिल्ल्या व्यक्तींक भेटयले.

हे कार्यावळीक महसूल मंत्री श्री. आतानासियो मोंसेरात, वीज मंत्री श्री.सुधीन ढवळीकार आनी मुखेल सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल हाजीर आशिल्ले. हे कार्यावळींत हेर कितलेशेच सरकारी अधिकारी, समाजसेवक, शिक्षक आनी विद्यार्थी हाजीर आशिल्ले.

डीआय/एनबी/पीएन/एएस/2023/

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.